08/11/2025 आकाशवाणी पणजी 7.20 pm

प्रादेशिक खबरो

मुखेल खबरो

- भगवान बरसा मुंडाचो आदर्श नजरेमुखार दवरून दर ऐकल्यान समाजा खातीर काम करपाची गरज आसा असे मत मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणी उत्कायला.
- 10 ते 13 नोव्हेंबर मजगत 'गोंय आंतरराष्ट्रीय कला महोत्सव
- दि आर्टिस्ट ग्रुप वतीन कला अकादमीत आयोजित केला.
- गोंयची फामाद थ्रायथलोन सर्त आयर्नमॅन ७०.०३ फाल्या आयतारा ९ नोव्हेंबराक सुरू जातली
- जिल्हो पंचायत आरक्षणाची अधिसुचवणी जारी जाल्ल्यान उमेदवारांचे निवड प्रक्रीयेक गती मेळटली.

भगवान बरसा मुंडा हाणीं आपल्या पुराय जीणेंत समाजकार्य केले. जल जमीन आणि जंगल हो त्यांच्या आंदोलनाचो एक मुख्य विषय आसलो. याच विषयाक धरून ताणी आपल्या पुराय जीणेंत आदिवासी तसेच समाजातल्या घटकांच्या उदर्गतीखातीर सदाच आंदोलना केली तांचो आदर्श नजरेसमोर दवरून आज प्रत्येकान समाजा खातीर काम करपाची गरज आसा.हाचेखातीर अशा कार्यावळींची गरज असता असे मत मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणी उत्कायला. साखळेच्या रवींद्र भवनात भगवान बरसा मुंडा यांच्या जयंतीनिमित्त आयोजित केल्या विशेष कार्यावळीत मुखेल सोयरे म्हणून ते उलयताले. ह्यावेळार त्यांच्या सांगतात कला आणि सांस्कृतिक मंत्री रमेश तवडकर ,मये मतदार संघाचे आमदार प्रेमेंद्र शेट, साखळेची नगराध्यक्ष सिद्धी प्रभू, रविंद्र भवन चे उपाध्यक्ष दत्तराम चीमुलकर आणि हेर मानेस्त हजर आसले.आपल्या उलोवपांत मंत्री रमेश तवडकर हाणी सांगले की भगवान बरसा मुंडा हाणी आदिवासी समाजाच्या कल्याणासाठी तशेच उदर्गतीखातीर सदाच यत्न केले आणि त्यांच्याच योगदानाक लागून आदिवासी समाजाक समाजात मान सन्मान आणि आदर मेळटा. अशा व्यक्तीची जयंती साजरी करताना आपल्याक खूप खोस जाता असे मत तवडकर हाणी उत्कायलें. हे वेळार हेर मानेस्तांची भाषणां जालीं.

गोंयच्या कला मोगीं खातीर एक आगळोच कला महोत्सव 10 ते 13 नोव्हेंबर मजगती दि आर्टिस्ट ग्रुप वतीन कला अकादमीत हा आयोजित केल्या.केरळ राज्यांतल्या 36 नामनेच्या कलाकारांचीं कला तातूंत प्रदर्शीत करतले. दरेकी कलाकार आपली खाशेली कला, भावनीक शैली आनी सृजनशील कल्पना माचयेर सादर करतले. पारंपारीक शैलीं सावन आधुनीक कलेच्या वेगवेगळया माध्यमांतल्या कलांक लागून ह्या महोत्सवांत प्रेक्षकांक एक वेगळो कला अणभव मेळटलो. कला मोगी आनी सामान्य प्रेक्षक हांचे मदीं संवाद, सृजनशीलताय आनी सहकार्याची नवी दिका निर्माण जातली, अशी आस्त आयोजकांक आसा, अशे ह्या प्रदर्शनाची क्युरेटर रेहना आसा हाणी सांगले.

गोंयची फामाद थ्रायथलोन सर्त आयर्नमॅन ७०.०३ फाल्या आयतारा ९ नोव्हेंबराक सुरू जातली. हे सर्तींत संवसारांतल्या ३१ देशांतले सुमार १हजार ३०० सर्तक वाटेकार जातले. धांवप, पेवप आनी सायकल चलोवप ह्या तीन गजालींचो ह्या थ्रायथलॉनांत आसपाव आसा.शुक्रारा पणजे आयर्नमॅन हे सर्तीचो जर्सी आनी मॅडल उक्तावण सुवाळ्या जालो. बॉलीवूड आनी तामीळ अभिनेत्री सैयम्मी खेर, पर्यटन संचालक केदार नायक, हर्बालायफ इंडीयाचे वेवस्थापकी संचालक अजय खन्ना हांचे हस्तुकीं मेडल आनी जर्सीचें अनावरण जालें.हे थ्रायतलोन सर्तींत १.९ किमी पेवप, ९० किमी सायकल चलोवप आनी २१.१ किमी धांवप हे तीन गजालींचो आसपाव आसतलो. फाल्या आयतारा सकाळीं मिरामार दर्यादेगेर हे सर्तीचें उक्तावण जातलें.
संवसारभरांतले एथलीट्स हे सर्तींत वांटेकार जावन आपली मर्यादेची परिक्षा घेतात ते पळोवन प्रेरणा मेळटा. एक एम्बसेडर आनी सर्तक म्हण शिस्त, ताकद आनी मोग मनोवपी समुदाया भितर वाटेकार जावप ही म्हजे खातीर अभिमानाची गजाल आसा, अशें मत सैयमी हांणी मांडलें. आयर्नमॅन गोवा ७०.३ हे पांचवे आवृत्तीचे येजमानकी करून आमी गोंय हें फकत मनरीजवणीचें थळ म्हणूनच न्हय तर अंतरराष्ट्रीय खेळां पर्यटनाचें केंद्र म्हण आमी नावरुपांक हाडटात, अशें पर्यटन संचालक केदार नायक हांणी सांगलें.

राज्यांत १३ डिसेंबराक जावपी जिल्लो पंचायत वेंचणुकेच्या आरक्षणाची अधिसुचवणी जारी जाल्ल्यान उमेदवारांचे निवड प्रक्रीयेक गती मेळटली. उत्तर आनी दक्षिण गोंय मेळोन 50 मतदारसंघा पैकी 32 मतदारसंघ आरक्षित आसा जाल्यार

मतदारसंघ सर्वसामान्यांखातीर आसा. उत्तरेत 15 जाल्यार दक्षिणेत 17 मतदारसंघ आरक्षित आसा.  इत्सुकां कडल्यान तयारी सुरू आसतानाच आरक्षण जाहीर जाला.  आता उमेदवारांची निवड प्रक्रीया सुरू जातली, अशें प्रदेश भाजप अध्यक्ष दामू नायक हांणी स्पश्ट केलें.

खेळा आनी युवा वेव्हार खात्यावतीन 1 आनी 2 डिसेंबराक दिसा कलाअकादमी, पणजी हांगा 22 व्या राज्य युवा महोत्सवाचे आयोजनकरतले. ह्या वर्सा राज्य युवा महोत्सवाची संकल्पना विसकीत भारत,युवा नेतृत्व अशी आसा.ह्या महोत्सवात युवा कलाकारांक लोकनाच(पंगड), लोकनाच (सोलो), फोटोग्राफी, कथा खन,पोस्टर, पेंटिंग, वक्तृत्व, लोकगीत, लोकगीत (सोलो), रांगोळी अशांकला प्रकारांत आपली कला-कौशल्य दाखोवपाची संद मेळटली

डिजिटल पुरावे हाताळपाची गुंतागुंत सतत वाडत आसता, आनी ते खातीर कायदेशीर वेवसायिकांक सायबर गुन्यांवाची चवकशी करपी नवे तंत्र  आनी हेर कायदेशीर बाबी विशीं अद्ययावत रावपाची गरज आसा अशें मत मुंबय उच्च न्यायालयाचे वकील प्रशांत माळी हांणी उच्चायले. दक्षिण गोंय वकील संघटणेन सायबर, फॉरेंसिक आनी इलॅक्ट्रॉनीक पुराव्यासंदर्भात मडगाव हांगा परिसंवाद घडोवन हाडिल्लो. त्या वेळार माळी हाणी गोयच्या वकिलांनाक मार्गदर्शन केलें. हो परिसंवाद मडगाव हांगाच्या रवींद्र भवनात जालो.सायबर फॉरेंसिक मळार कायदेशीर आव्हानां आनी न्यायालयांत इलॅक्ट्रॉनीक पुरावे मान्य करप ह्या विशयाचेर ह्या  परिसंवादात चर्चा जाली. आयज 90 टक्के घटस्फोट सोशल मिडियाक लागून जातात अशेंय तांणी सांगलें. ह्या परिसंवादांत गोंयच्या कायदेशीर मळावेल्या जाणकार लोकांनी वांटो घेतिल्लो. दक्षिण गोंय वकील संघटनेचे अध्यक्ष **ॲ**ड. प्रसाद नायक, उपाध्यक्ष **ॲ**ड. कीव पेस, सचीव ॲड. रोहित शिरोडकर, भांडारी **ॲ**ड मारिया डी कोस्ता आनी बायलांच्यो प्रतिनिधी ॲड. लिआ डिनिज आनी हेर लोक हाजीर आशिल्ले.

फोंडा तळावली श्री महालक्ष्मी युवक संघाची एकांकी सर्त जाहीर जाल्या. कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या आदारान २५ ते २९ डिसेंबर मेरेन ही सर्त जातली. ओंदू ह्या सर्तीचें २९ वे वर्स. गोंय राज्य पांवड्यार मराठी एकांकी सर्तीक दर वर्सा बरो प्रतिसाद मेळटा. ही सर्त तळावलीच्या श्री महालक्ष्मी युवक संघाच्या कला मंदिर सभाघरांत जातली अशी म्हायती श्री महालक्ष्मी युवक संघाचे सचीव सुदेश भिंगी हांणी पत्रकारांक दिली. ही सर्त ह्या वर्सा सावन

उच्च माध्यमीक आनी म्हविद्यालयातल्या विद्यार्थ्यां खातीर उत्ती आसा. राज्यांतल्या अभिनय मळार चडांत चड कलाकार तयार करपा खातीर आनी तरणाट्या कलाकारांक आपली कला दाखोवपाक एक मंच मेळचो हे खातीर संघटणेन ही सर्त घडोवन हाडल्या. हे सर्तींत, साबार सांघीक आनी वैयक्तीक इनामां आसात अशें आयोजकांनी कळीत केलां.

कला आणि संस्कृती संचालनालय पर्यटन खाते, माहिती आणि प्रसिद्धी खाते, दीपावली उत्सव समिती आनी श्री देव विठ्ठल पंचायतन देवस्थान सांखळी गोवा हाच्या जोड्पालवान आयोजित केल्या राज्य पांवड्यावेले त्रिपुरारी पूर्णिमा बोटी सर्तीचे निकाल जाहीर जाल्यात. ह्या सर्तींत, वाळवंटी बॉईज, पर्ये, सत्तरी हांका पयलें 40,000/- रुपयाचे इनाम रोलिंग ट्रॉफी फावो जाला कल्युगी बॉयज, विथलापूर, सांखाली हांकां रोलिंग ट्रॉफी आनी 35,000 रुपयाचे ,दुसरे जाल्यार तालखंबेश्वर बॉईज, डिचोली हांका तिसरे इनाम रोलिंग ट्रॉफी आणि, वटारी बॉईज, तुळशीमाला, पर्ये, सत्तरी सत्तरी हांकां रोलिंग ट्रॉफी आनी 1000 रुपयाचे चवथें इनाम मेळ्ळें.जाल्यार युनिक बॉईज गुरववाडा, पर्ये, सत्तरी हांका पाचवे इनाम फावो जाला.

पयलें इनाम सांत्वन, श्री भूतनाथ बॉयज, सावंतवाडा, आमोना ; दुसरें तालेश्वर, माजीकवाडा, पारये, सत्तरी; तिसरें वाटरेश्वर बॉयज, पारये, सत्तरी; चवथें, ब्रम्हनी, घोळवाडा, पारये, सत्तरी आनी 5 वी सांत्वन, राणी प्रिन्सी, रानेवाडा, पारये, सत्तरी हांका फावो जाला .राज्य पांवड्यावेले बोटीचे सर्तीचें परीक्षण गोवा कॉलेज ऑफ फाइन आर्ट, पणजीचे सहाय्यक प्राध्यापक सागर गावडे; राजेश चोडणकर आणि संजय चंद्रशेखर हाणी केले.

आकाशवाणी पणजी फाल्या सांजें 5 वरांचेर गोवा विद्यापीठाच्या रसायनशास्त्र विभाग सभाघरांत 67वे आकाशवाणी संगीत सम्मेलन घडवोन हाडता.
हतुत नामनेचे कलाकार आपली कला सादर करतले. अस्तंती शास्त्रीय संगीत व्हायोलीन युगल, देब शंकर रॉय आनी ज्योति शंकर रॉय सादर करतले . मराठी नाट्यसंगीत प्राची प्रदीप जठर जाल्यार कोंकणी गीता डॉ शकुंतला भरणे सादर करतल्यो . ह्या कार्यावाळीक चडात चड लोकांनी हाजीर रावचे अशे आकाशवाणी पणजीच्या महासंचालकानी मागला .

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत चडात चड तापमान 31.3 औंश सेल्सिअस नोंद जाला तर उण्यात उणे  तापमान २४.5 औंश  सेल्सिअस नोंद जाला.फुडले काय दिस  राज्यत हवामान सुकें उरपा संयत सकाळींच्या वेळार धुकें पाताळपाची शक्यताय खात्यान उक्तायला.